# प्रादेशिक खबरो १८.०८.२०२५ @ ७.20 pm

1 निर्मात्यांचेर कसलोच भार लादनासतना कोंकणी आनी मराठी फिल्मां पुनर्संचयित गोंय मनरिजवण संस्था करतली अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सवंत हांणी केल्या.

२ राज्य सरकारतर्फे चालिक लायीलो  मझे घर कायदो येत्या सप्टेंबर महिन्यापासून लागू जातली.

3 संवसारीक कुशळटाय सर्त 2026 खातीर नोंदनी  30 सप्टेंबर 2025 मरेन करू येता

4 मध्यस्थी केंद्र आनी प्रशिक्षण संस्थेचें उत्तावण मुंबय उच्च न्यायालय गोंय फाटयाची  वरिश्ठ न्यायाधीश न्यायाधीश भारती डांगरे हांणी केले

5 भारतीय हवामान खात्यान राज्या खातीर रेड  अलर्ट जारी केला

रश्मी 230

निर्मात्यांचेर कसलोच भार लादनासतना कोंकणी आनी मराठी फिल्मां पुनर्संचयित गोंय मनरिजवण संस्था करतली अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सवंत हांणी केल्या. गोंयच्या सिनेमाचो प्रेक्षक वर्ग खुप आसा. गोंयचे सिनेमांक 15 लाख गोंयकारां परस व्हड प्रेक्षक आसा, कर्नाटक, महाराष्ट्र, आनी दुबय, लंडन आदी परदेशांतल्या सुवातांनी सुमार 2 कोटी प्रेक्षकां मेरेन पावता अशें मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला. तंत्रीक प्रस्नांक लागून बंद जाल्ली फिल्म फायनान्स येवजण बेगीनूच सुदारून परतून सुरू जातली अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा. जाल्यार  अ, ब आनी क वर्गांतल्या चित्रपटांक अनुक्रमान ₹50 लाख, ₹30 लाख आनी

₹10 लाख अर्थीक मजत प्रस्तावीत केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिली.

गोय राज्य चित्रपट महोत्सवाचो समारोप सुवाळो पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जालो. गोय म्हायती आनी प्रसिद्धी खाते तशेच गोंय मनरीजवण संस्थेच्या जोडपालवान अंदु 10,11,12 व्या ह्या गोंय राज्य चित्रपट महोत्सवाचे पणजे कला अकादमीच्य मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयोजन केल्ले. film facilitation portal ह्या single window यंत्रणेचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. गोंयांत जल्मल्ली आनी हिंदी, मराठी आनी कोंकणी सिनेमांत योगदान दिवपी नामनेची अभिनेत्री, गायिका, मॉडेल आनी समाजीक वावुरपी वर्षा उसगांवकार हिका जीवनगौरव पुरस्कार प्रदान केलो. गोंयांतल्या सिनेमा मळार केल्ल्या योगदाना खातीर सरगेस्त बाबा नायक हांकां गोंयच्या सिनेमा दायजाचे मानेस्त म्हण भौमान दिलो. ह्या का़र्यक्रमांत फिचर आनी नोन फिचर फिल्मांच्या जूरी वांगड्यांचोय भोवमान केलो. गोंयात सिनेमांच्या चित्रीकरणाखातीर लागपी सगळे परवाने दीवपाची प्रक्रीया सोपी करपाच्या हेतान 1 september सांवन single window system clearance system चालीक लायतले अशी म्हायती गोंय मनरिजवण संस्थेची उपाध्यक्ष डीलायला लोबो हीणे ह्यावेळार दील्या.

सुशांत 100

मडगावात जर वेपाऱ्यांनी परवानगी दिली तर तांच्याखातीर गोंयांतले सगल्यात सुंदर आनी अत्याधूनिक सोयी आशिल्ले अल्ट्रा मॉडर्न मार्केट बांदपाची सरकारची तयारी आसा अशें मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी सांगला
मडगावच्या न्यू मार्केटात ७० लाख रुपया खर्चुन दोन इमारतींचेर नवी पाश्टां घाल्यात. ताचे उक्तावण केले उपरांत ते उलयताले. मडगावच्या पिंपळापेड वाठाराचे सोबीतीकरण करपाची येवजण जाहीर करुन थंय आशिल्ले पोन्ने पेव्हर्स काडून नवे पेव्हर्स बसयतले. तसेच न्यू मार्केटच्या नव्या कामाखातीर देड कोटी रुपयांची निविदा जाहीर केल्या आनी पावसाउपरांत ह्या कामाक सुरुवात जातली अशी म्हायती आमदार कामत हांणी दिली. ह्यावेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, बाजार समितीची अध्यक्ष दीपाली सावळ, न्यू मार्केट संघटनेचे अध्यक्ष गोपाळ नायक आनी हेर वेपारी हाजीर आशिल्ले.

महेश 70

राज्य सरकारतर्फे चालिक लायीलो मझे घर कायदो येत्या सप्टेंबर महिन्यापासून लागू जातली. १९७२ पयलीची घरा कायदेशीर करपाक आनी त्या उप्रांतची लेगीत आपल्या जम्निचेर बंदिल्ल्या घरा जाची आसात त्या खातीर लोकांनी आपल्या घरांची कागदपत्रा तयार करून सादर करची . गोयातल्या लोकांच्या घरांक संरक्षण दिवपाक हो कायदो चालिक लायला आणि गोयकारांच्या घरांचो फुडार सुरक्षित दवरपाक हो कायदो आसा अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी पाळी

पंचायतीच्या पंचायत इमारत बुन्याद घाल्पाच्या सुवाळयात उलयताना सांगले.

Dip 155

संवसारीक कुशळटाय सर्त 2026 खातीर केंद्रीय कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय मंत्रालयाच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय विभागा वतीन राष्ट्रीय कुशळटाय विकास महामंडळच्या समन्वयान गोंयांत भारत कुशळटाय सर्त 2025 आयोजीत करता ह्या सर्तीचो भाग म्हणून, एक प्रारंभिक स्क्रीनिंग फेरी आसतली आनी त्या उपरांत जिल्हो, राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार कुशळटाय सर्त जातली. राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या सर्तींतले जैतिवंत चीनातल्या शांघाय हांगा जावपी संवसारीक कुशळटाय सर्त 2026 त भारताचे प्रतिनिधित्व करतले. नोंदणी खातीर उमेदवार आनी सर्तका खातीर एकमेव पात्रता निकष म्हळयार सर्तकाचो जल्म 1 जानेवारी 2004 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय.

गोय राज्या खातीर निवड केल्ल्यामदी पर्यटनक्षेत्रत पेस्ट्री आनी कन्फेक्शनरी, रेस्टॉरंट सेवा, रांदप, बेकरी आनी हॉटेल रिसेप्शन, बी अँड डब्ल्यू क्षेत्रत ब्युटी थेरपी, प्लंबिंग

क्षेत्रात प्लंबिंग आनी हीटिंग, एपेरल्स क्षेत्रात फॅशन तंत्रज्ञान, भांडवली वस्तू क्षेत्रात वेल्डिंग आनी इलेक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रात रेफ्रिजरेशन आनी एअर कंडिशनिंग कुशळटायेचो आस्पाव आसा.

नोंदणीची निमाणी तारीख 30 सप्टेंबर 2025 आसा. अदीक म्हायती खातीर परीक्षा कक्ष, कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय, तिसरो माळो श्रमशक्ति भवन, पाटो-पणजी चेर संपर्क करचो.

Dip 70

बायलां आनी भुरगी विकास संचालनालयान किशोर न्याय (भुरग्यांची जतनाय आनी संरक्षण) कायदो, 2015 खाला किशोर न्याय निधी नेम, 2023 च्या नियम 3 (ब) खाला उपक्रम म्हणून खातें उगडलां. व्यक्ती, संस्था आणि कॉर्पोरेट संस्था आपल्या कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी (CSR) उपक्रमाचो भाग म्हणून निधी खातीर देणग्या आणि योगदान देऊ शकतात. गोवा बाल न्याय निधी नियम, २०२३ नियम ३ (b) त नमूद केल्याप्रमाण बाल कल्याण उपक्रमांच्या विस्तृत श्रेणीक तेको दिवप हे या निधीचे उद्दिष्ट आसां .

Dip 250

मुंबय उच्च न्यायालयान गोंयच्या उच्च न्यायालयाच्या मध्यस्थी निरिक्षण उपसमिती गोंय वरवीं हालींच आपलें मध्यस्थी केंद्र आनी प्रशिक्षण संस्था उक्तावण केल्या, जी पर्यायी वाद निवारणाक चालना दिवपाक, मध्यस्थीं मदी क्षमता निर्माण करपाक आनी न्यायाची मेळ वाडोवपाक एक उपक्रम आसा. आल्तिन्हो, पणजेच्या पोरन्या हायकोर्ट इमारतींत आशील्ल्या मध्यस्थी केंद्र आनी प्रशिक्षण संस्थेचें उक्तावण मुंबय उच्च न्यायालय गोंय फाटयाची वरिश्ठ न्यायाधीश न्यायाधीश भारती डांगरे हांणी उच्च न्यायालयाची कायदेशीर सेवा समितीचे अध्यक्ष न्यायमूर्ती वाल्मीकी मेनेझेस न्यायाधीश निवेदिता पी.मेहता, आनी देविदास पंगम, ॲडव्होकेट जनरल, गोंय. हांचे उपस्थितीत केले.

उच्च न्यायालयाचे कायदेशीर सेवा समितीचे अध्यक्ष न्यायमूर्ती वाल्मीकी मेनेझेस हांणी आपल्या येवकार उलोवपांत सांगलें कि गोंयांत मध्यस्थी केंद्र आनी प्रशिक्षण संस्था उक्तावण करप हो गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाक अभिमानाचो खीण. पर्यायी वाद निवारणा खातीर एक बळिश्ट साधन आशिल्ल्या मध्यस्थी प्रक्रियेचे मुखेली आनी ब्रँड अँबॅसेडर आसतले अशा मध्यस्थांच्या पयल्या गटाक सोमारा प्रशिक्षण दितले अशें तांणी जाहीर केलें. एडीआर खातीर साधन म्हणून मध्यस्थी करपाक येस मेळपाची चड संभाव्यताय आसता आनी ही प्रक्रिया खाजगी आनी बंद दारां फाटल्यान गुप्त जाता अशें तांणी भर दिलो. वरिश्ठ न्यायाधीश भारती डांगरे हानी न्यायाचो मेळ वाडोवपाक आनी न्यायवेवस्थेचेर भार उणो करपाक मध्यस्थीचें म्हत्व उक्तायलें.

गोंय राज्याचे ॲडव्होकेट जनरल देवीदास पंगम हांणी आपल्या उलोवपात सांगलें,कि गोंय राज्यान थळावी सुविधा जोडल्या, जाका लागून गोंयच्या लोकांक वाद सौहार्दपूर्ण रितीन सोडोवपाचो पर्याय

मेळटा. न्यायवेवस्था, बार वांगडी आनी हेर जायत्या प्रतिबद्ध व्यक्तींच्या उपक्रमाचें आनी सातत्यान यत्नांचें उत्पादन अशें तांणी भर दिलो. थळाव्या मध्यस्थी केंद्रा वरवीं वाद सोडोवपाक समुदाय आदारीत आनी सोपो मार्ग मेळटा, जाका लागून आमच्या न्यायालयांचेर दबाव उणो जाता, भौशीक आनी खाजगी साधनसुविधा वाचता आनी गोंय राज्याक खाशेलें करपी समाजीक कापड तिगून उरता अशें तांणी सांगलें.

स्पोर्ट्स 40

AFC चाम्पियन लीग २ फुटबॉल सरतीत FC गोवाची मोहीम 17 सप्तेमबर सावन इराकच्या al झावरा पगडाआड  फातोर्डा हांगा जातली. Al नासर क्लब 22 ऑकटोबराक गोयात येतलो. ताचे उपरांत रीयाधाक 5 नोवेमबराक खेळ जातलो. ताजीकीस्तानाल्या AFC ईस्तिकलोल ड गटातलो चवथो पगड. निमणो सवो खेळ २४ दिसेमबराक जातलो.

हवामान 130

गोयात फाटल्या कांय दिसां सावन सुरू आशिल्या उटंगाराच्या पावसाक लागुन जनजीवन विस्कळीत जाला. गणेश चतुर्थी आदी अधूनमधून पडपी घोग्याच्या पावसाक लागुन उत्सवी खरेदीचो मूड बिघडला. कालमेरेन उटंगारायो पाऊस सुरू उरलो, जाकालागुन हंगामी पाऊस ९० इंचाच्या मुखार गेला. आयएमडीच्या आकडेवार प्रमाण १ जून ते १७ ऑगस्टच्या सकाळपर्यंत या पावसाळयात एकूण ८७.२९ इंचाचा पाऊस पडला. वाळपय धारबांदोरा, केपे आणि सांग्या सयत खुपशा सुवातांनी

१०० इंचाचो पावंडो हुपला जाका लागुन बाजारपेठांत गर्दी कमी जाल्या आणि रहिवाशांच्या उत्सवा आदीच्या खरेदीमदी आडमेळ आयला. भारतीय हवामान खात्यान राज्या खातीर रेड अलर्ट जारी केला येत्या काय दिसांत राज्यात दडकांनी पाऊस सुरू उपराची शिटकावणी आसा, तशेच ३० ते ४० किमी प्रति वेगान वारे व्हावतले अरबी समुद्रात कमी दाबाच्या क्षेत्राक लागुन हवामानाचा हो प्रकार शुक्रवार मेरेन कायम उरपाची शक्यता आसा. अधिकाऱ्यांनी रहिवाशांक, विशेषतः असुरक्षित भागातल्या रहिवाशांक सावधगिरी बाळगुपाचो आणि सुरक्षिततेच्या सूचनांचे पालन करपाचो सल्ला दिला.